**22nd November 2026**

**8.40am**

**आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या**

**राष्ट्रीय खबरो**

मुखेल खबरो

- **फाटल्या वर्सा केल्ल्या आवाहना उपरांत, लोकांनी भांगर विकतें घेवप कमी केल्ल्यान, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी खोशी उक्तायल्या.**
- **केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हाणी अरुणाचल प्रदेशांत शांतताय आनी सुरक्षा तिगोवन दवरपा खातीर, केंद्रीय आनी राज्य सुरक्षा एजन्सी मदीं समन्वयाच्या गरजेचेर भर दिला.**
- **नेपाळचे प्रधानमंत्री बालेंद्र शाह आयच्यान, दोन दिसांचे भारत भोंवडेर येतले.**
- **५७व्या IFFI तल्या 'Films from BRICS' ह्या विभागाची सुरवात, आयज नितेश तिवारी दिग्दर्शीत हिंदी चित्रपट, 'रामायण' च्या प्रदर्शनान जातली.**
- **काठमांडूंत, Four नेशन कप कबड्डी चॅम्पियनशिप सर्तींत, भारताच्या चल्यांच्या पंगडान, बांगलादेशाक हारोवन जैत जोडले.**

---

पीएम भांगर

फाटल्या वर्सा केल्ल्या आवाहना उपरांत, लोकांनी भांगर विकतें घेवप कमी केल्यान, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी खोशी उक्तायल्या. हाका लागून भांगराचे दर देंवपाक मदत जाली. आपल्या आवाहनाक लोंकानी दिल्लो प्रतिसाद बरो थरलो, अशे प्रधानमंत्र्यांनी सांगलें.

फाटल्या कांय म्हयन्यांत भांगराच्या दर व्हड प्रमाणांत देवल्यात. 24 कॅरेट भांगराचे दर काल 12,523 रुपया जाले. एप्रिल-ऑक्टोबर 2026 ह्या काळांत, भांगराची आयात सुमार 40% उणी जाली.

---

Amit Shah Arunachal Meet

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हाणी अरुणाचल प्रदेशांत शांतताय आनी सुरक्षा तिगोवन दवरपा खातीर, केंद्रीय आनी राज्य सुरक्षा एजन्सी मदीं समन्वयाच्या गरजेचेर भर दिला. थळावें गुप्तचर जाळें घटमूट करून, संवेदनशील वाठारांचेर सेगीत निरिक्षण सुनिश्चीत करपाचो उलो तांणी मारला. अरुणाचल प्रदेशाची चीनाकडेन आशिल्ली सुमार 1 हजार  किलोमीटर लांब आंतरराश्ट्रीय शिमेच्या रणनितीचें म्हत्व मतींत घेवन, मंत्री शाहा हाणी शिम सुरक्षा वेवस्था आनी शिमेवयल्या रणनिती मुळाव्या साधनसुविधांच्या विकासाचोय नियाळ घेतलो. ताणी काल इटानगरांतल्या लोकभवनांत उंचेल्या पांवड्यावेल्या नियाळ बसकेचे अध्यक्षपद सांबाळ्ळे आनी ईशान्य राज्यांतली कायदो आनी सुवेवस्था, अंतर्गत सुरक्षा, शिम वेवस्थापन आनी उदरगती संबंदीत मुखेल प्रस्नांचेर चर्चा केली. थळाव्या लोकांक उदरनिर्वाहाची संद वाडोवपा खातीर, व्हाइब्रेंट व्हिलेज कार्यावळ प्रभावीपणान चालीक लावपाचेर तांणी उजवाड घालो. मिशन कृशी वीर आनी मिशन अरुण हिम-वीर खाला एक वेगळी पद्दत आपणावची, अशें ताणी नमूद केले. राज्य सरकार हे निर्देश चालीक लावपा खातीर सगळे यत्न करतलें अशें आश्वासन मुखेलमंत्री पेमा खांडू हाणी दिलें.

---

PM on ITI

तरणाट्यांक सशक्त करपाक आनी देशाची प्रगती चालीक लावपाक, कुशळटाय उदरगत आनी तंत्रीक प्रशिक्षण महत्वाचे आसा, अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. काल लखनौत जाल्ल्या ‘5व्या कौशल दीक्षांत सुवाळ्याक’ संबोधीत करतना प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें, आय.आय.टी आसूं वा आय.टी.आय, आपले खातीर ही दोनूय राष्ट्राची अमूल्य संपत्ती आसा. ह्यो दोनूय संस्था देशाच्या बळग्याचें प्रतिनिधित्व करतात, अशेंय तांणी स्पष्ट केले.

योग्य कुशळटाय आशिल्ल्या लोकांची नोकरी, एआय  घेवंक शकना, अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें. भारत संवसाराखातीर कुशळटाय राजधानी जावपाचे दिकेन पावला मारता. कुशळ आनी प्रशिक्षीत वेवसायिकां खातीर पुराय संवसार भारता कडेन पळयता, अशेंय प्रधानमंत्र्यांनी सांगलें.

---

Nepal PM India Visit

नेपाळाचे प्रधानमंत्री बालेंद्र शाह आयच्यान, दोन दिसांचे भारत भोंवडेर येतले. अंदूं मार्चांत पदभार संभाळल्या उपरांत, ही तांची पयली भारत भेट आसतली. आयज नवी दिल्ली पावतकच ते विदेश वेव्हार मंत्री डॉ. एस जयशंकर हांचे कडेन, बसका घेतले. फाल्यां नेपाळाचे प्रधानमंत्री, राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आणि प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांची भेट घेवपाचे आसात. दोनूय प्रधानमंत्री भारत-नेपाळ संबंदांच्या पुराय व्याप्तीचो नियाळ घेतले आनी परस्पर हिताच्या प्रादेशिक आनी आंतरराष्ट्रीय प्रस्नांचेर विचारांचे आदान-प्रदान करतले. हे भेटींतल्यान द्विपक्षीय भागीदारी आनीक घटमूट करपाची संद मेळटली.

---

IFFI Brics

५७व्या भारतीय आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सव म्हळ्यार IFFI तलो ‘Films from BRICS' हो विभाग आयज नितेश तिवारी दिग्दर्शीत हिंदी सिनेमा 'रामायण: रायज ऑफ अ लेजेंड भाग 1' प्रदर्शीत जातलो. रामायण शिवाय आनीक 21 चित्रपट ह्या विभागात प्रदर्शित करपाचे आसात. मजगती, भारतीय पॅनोरमा विभागांत चित्रपटांची निवड करतना कथानकाची मौलिकता, प्रभावी मांडणी आनी भावनिक आशय हांका प्राधान्य दिल्लो, अशें महोत्सवाच्या भारतीय पॅनोरमा फीचर फिल्म ज्युरीचे अध्यक्ष मधुर भांडारकर हांणी सांगलें. ह्या वर्सा भारतीय पॅनोरमा विभागांत २५ फीचर फिल्म्स, आनी २० नॉन-फीचर फिल्म्सचो आस्पाव आसा.  तशेच काल गोयातल्या कला अकादमींत 'क्रिएटिव्ह माइंड्स ऑफ टुमारो' ह्या उपक्रमाच्या सहाव्या आवृत्तीचें

काल उक्तावण जालें. ह्या सर्तीत वाटेकार जावपी पाच पंगड, ४८ वरांत लघुपट तयार करतले. ह्या चित्रपटांचें प्रदर्शन इफ्फींत जातलें.

---

Netherland Minister Visit

नेदर्लंडसाचे विदेश वेव्हार मंत्री टॉम Berend-sen हे आयज भारताच्या दोन दिसांच्या अधिकृत भेटीर नवी दिल्लीत पावतले. ह्या वेळार ते विदेश वेव्हार मंत्री डॉ. एस जयशंकर आनी म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णवा हांचे कडेन मुखेल क्षेत्रांतल्यान, द्विपक्षीय सहकार्य घटमूट करपा विशीं चर्चा करतले. फाल्यां डच विदेश वेव्हार, मंत्री वैष्णव हांचे कडेन बसका घेतले. ह्या भेटी वरवी भारत आनी नेदर्लंड्स आपली रणनिती भागीदारी वाडोवन राजकी, अर्थीक, वेपारी आनी तंत्रीक मळार सहकार्य घटमूट करपाचो हेत असा. ह्या भेटेक लागून द्विपक्षीय सहकार्याच्या प्रगतीचो नियाळ घेवपाची संद मेळटली, अशी आस्त आसा.

---

PM on Nation First

'इंडिया फर्स्ट' ह्या संकल्पनेक जोडून, नवकल्पनेक कसलीच आडमेळ येवची ना, असो नवो भारत घडोवपाक आयआयटी खडगपूरच्या विद्यार्थ्यांनी आनी आदल्या विद्यार्थ्यांनी योगदान दिवचें, असें आवाहन प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी केलें. आयआयटी खरगपूरच्या अमृतमहोत्सवी वर्साच्या सुवाळ्यात प्रधानमंत्री मोदी हांणी विद्यार्थ्यांक मार्गदर्शन केलें. देश उबारपाक ह्या संस्थेन म्हत्वाचें योगदान दिलां, अशें तांणी सांगलें. विकसित भारताचें ध्येय साध्य करपाखातीर संशोधन आनी नवकल्पनांक चालना दिवपाचें आवाहन तांणी केलें.

---

Kabaddi

काठमांडूंत जाल्ल्या, Four नेशन कप कबड्डी चॅम्पियनशिप सर्तीत, भारताच्या 20 वर्सां सकयल्या चल्यांच्या कबड्डी पंगडान, बांगलादेशाचेर 76 आड 21 अशे जैत नोंद करून, 55 गूणांच्या फरकान जैत मेळयलें. सध्या भारत गुण तालिकेत पयल्या

क्रमांकाचेर आसा, जाल्यार नेपाळ दुसरे सुवातेर आसा. हे सर्तीत भारत, नेपाळ, बांगलादेश आनी थायलंड अशे चार पंगड आसतात. सर्तीच्या स्वरूपा खाला, दरेक पंगड ६ मॅचींच्या लीग पांवड्यार एक फावट, हेर पंगडां कडेन खेळटलो आनी फाल्यां पयले दोन पंगड, फायनलींत पात्र थारतले.

---

Hockey India

हॉकींत काल सांजे भोपाळांत जाल्ल्या बायलांच्या आशियाई चॅम्पियन्स ट्रॉफीच्या लीग स्टेज मॅचींत, भारतान दक्षिण कोरियेक 2 आड 1 आशा फरकान जैत मेळयले. भारता खातीर मुमताज खानान पयलो गोल, जाल्यार सुने-लिता टोप्पोन दुसरो गोल केलो. नवनीत कौराक Player of the Match फावो जाले. हे सर्तीत भारताचे हे सेगीत दुसरे जैत आसा. भारताची फुडली मॅच आयज थायलंड आड जातली. उपरांत, 24 नोव्हेंबराक चीन आनी 25 नोव्हेंबराक जपान हांचे कडेन ते झुजतले. लीग पावडो 25 नोव्हेंबर मेरेन चालू उरतलो. 27 नोव्हेंबराक पोझिशन मॅच जातली, उपरांत 28 नोव्हेंबराक कांस्य पदक आनी भांगरा पदकाची मॅच जातली.

---

हवामान

भारतीय हवामान खात्यान आयज आसाम, मेघालय, नागालँड, मणिपूर, मिझोराम आनी त्रिपुरा वाठारांत व्हडा प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. तशेंच रायलासीमा वाठारांत वीज आनी वादळी वारें वांगडा गडगड मारपाचो अदमास आसा. फाल्यां मेरेन उदेंत उत्तर प्रदेशात दाट धुकें उरतले, अशें हवामान खात्यान सांगलां.

---

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतुन एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- **फाटल्या वर्सा केल्ल्या आवाहना उपरांत, लोकांनी भांगर विकतें घेवप कमी केल्ल्यान, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी खोशी उक्तायल्या.**

- केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हाणी अरुणाचल प्रदेशांत शांतताय आनी सुरक्षा तिगोवन दवरपा खातीर, केंद्रीय आनी राज्य सुरक्षा एजन्सी मदीं समन्वयाच्या गरजेचेर भर दिला.
- नेपाळचे प्रधानमंत्री बालेंद्र शाह आयच्यान, दोन दिसांचे भारत भोंवडेर येतले.
- ५७व्या IFFI तल्या 'Films from BRICS' ह्या विभागाची सुरवात, आयज नितेश तिवारी दिग्दर्शीत हिंदी चित्रपट, 'रामायण' च्या प्रदर्शनान जातली.
- काठमांडूंत, Four नेशन कप कबड्डी चॅम्पियनशिप सर्तींत, भारताच्या चल्यांच्या पंगडान, बांगलादेशाक हारोवन जैत जोडले.

---